<u>**दक्षीण गोंयांत पावसाळ्यात रस्ते खणपाक बंदी**</u>

ता. 15 जुलय 2020

दक्षीण गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान पावसाळ्यात दक्षीण गोंय वाठारांतलो खंयचोय रस्तो वा रस्त्याचो भाग लेखी परवानगी घेतली बगर खंयचीय व्यक्ती, एजन्सी वा संघटनेक खणपाक बंदी लागू केल्या. तशेंच सध्या संबंदीत व्यक्ती वा एजन्सीन रस्ते वा रस्त्याचो भाग खणील्लो आसत जाल्यार तो बेगीनात बेगीन दुरूस्त करपाचो आदेश दिला.

हो आदेश ता. 15 जुलय 2020 सावन लागू जाला आनी ता. 13 सप्टेंबर 2020 मेरेन लागू उरतलो. ह्या आदेशाचे उल्लंघन करपी व्यक्ती/एजन्सीचेर कायदेशीर कारवाय जातली.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/389

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA